स्पन्दन

भास कोंकणी आवसु आमची। लिपि देवनागरी उडगासु दवराची।।

Date of Publication : 1-6-2014

स्मरणाञ्जली

केरळ कोंकणी अकादमी

कोच्ची

रुपया पाँच मात्र

Vanitha™
AYUR

Slim Tone
Shape Up Naturally

NO food control
exercise
side effects

- Eliminate bulk and unwanted obesity
- Reduce conversion of carbohydrates to fats
- Prevent oxidation of lipids by free-radicals
- Improve your functions
- Designed for long-term therapy

HERBAGRA
Herbal Energy Capsule

- Streamline premature ejaculations
- Rejuvenate the body by producing extra energy
- Corrects seminal debility and low sperm count
- Natural and effective formula
- Meant for long-term therapy

EXPORT ENQUIRES WELCOME

ALL NATURAL ACTIVE INGREDIENTS
ECO-FRIENDLY PROCESS ARE USED IN MANUFACTUARING

Mfd by:
AYUR RESEARCH CENTRE
ISO & GMP Certified Company
Tripunithura - 682 306, Kerala, Ph: +91 484 3931281, 3931282, 2785023
Email: vanithaayurvedics@vsnl.net www.vanithaayurresearch.com

स्पन्दन

प्रकाशन : केरळ कोंकणी अकादमी, कोच्ची

SPANDAN

Published by :
KERALA KONKANI ACADEMY
8/28, 'Santhery', 1st Floor,
Opp. M.S.C. Bank Ltd., Cherlai Road,
Cochin - 682 002. Mobile : 94477 35849
Email : keralakonkaniacademy@gmail.com

खंड : 3 अंक : 6 1936 ज्येष्ठ

मुखेल संपादक
सुरेश ए. शेणै

उप संपादक
पी. मनोहर

कोशाधिकारि
आर. के. प्रकाश

वाँगडी
जी. मोहन राव

न्यायोपदेशक
अड.वी.एन. वसन्त कुमार

प्रचार-प्रसार
टी. आर. सदानन्द भट

Graphics by :
K. Santhosh
Mob : 9895212521

मुखचित्र : मंगळूरचे एम. एस. कम्मत (मधु वा श्रीनिवास कम्मत) 29-4-2014 क इहलोक सोणु गेल्ले। 400 पस्सि चड कोंकणी गीन्त बोरोलु म्हळेले ह्यो आकाशवाणी अनि दूरदर्शनान्तु "ए" ग्रेड कलाकार अस्सिले। भावपूर्ण स्मरणाञ्जली। फोटो आभारी - www.daijiworld.com

लेखनान्तुली मतां त्या त्या बरोवप्याचीं

प्रति - ₹ 5/-
वार्षीक - ₹ 60/-

संपादकीय

दुसेरीयि एक अध्ययन वर्ष प्रारम्भु जात्ता। आजी कोंकणीक केरळ सरकाराले मान्यता मेळनु एक वर्ष पूर्ण जालें। जाल्यारि स्कूळान्तु कोंकणी सिखोवपाक आसीले व्यवस्था जायने। ह्यें बहु दुःखाचे कायरीं। ह्या वर्षा थाकून पुणीयिं कोंकणी सिखोंवचि व्यवस्था जातली म्हणु आमी विश्वासु पांवताय।

कोंकणीक मात्र लिपी खातीर तर्का-वाट केदनाय आसा। केरळान्तूयि आजी तें प्रारम्भु जाला। एकी भास सिकतना ताजे सम लिपीन सिखचे न्हयवें सम्म ? अतां हिन्दी, संस्कृत, अरबी, आंगलेय, तमिल, कन्नडा पूरा ते ते भाषेचे लिपी दोवोर्नु सिखचाक आम्का कसलेंयि विरोध ना। जाल्यारि कोंकणीक मात्र ती मलयाळम लिपीन जांवका म्हणु कसल्या हठ धरताय। आनी आमी सिखोंवचे सान भुरग्यांक। तन्नि हिन्दी, आंगलेय इत्यादी भास सिखचे वरी कोंकणीय सिखूक प्रयास करतलीं।

तवळी एक तर्क कोर्चाक मात्र एक विषय आमी दिकून धरताय। सर्वांलगीयि आमची एकी एक प्रार्थना की कोंकणी भाषेक अतँ मेळेले अनुकूल साहचर्याचे लाबु काडका म्होणूय आमचे आवय भासेचे उन्नमनाक एकमेळीन प्रयत्नु कोर्का म्होणूय सगडय ह्या बगेक सहकारु दित्तलिं म्होणूय अम्मी आशा दवोर्नु घेत्तायि।

कोच्ची, 01-06-2014 सुरेश ए. शेणै, मुखेल संपादक.

ആശംസകളോടെ.....

മാർജിൻ ഫ്രീ മാർക്കറ്റ് (രജി.)
(Controlled by Consumer Protection & Guidance Society, Regn. No. T.477/93)
1/1670 A,B,C. അമരാവതി, കൊച്ചി - 682 001
Phone : 2216112, 96050 90909, 99954 05866
ALL MAJOR CREDIT & DEBIT CARDS ACCEPTED
ESTD 1994
HOME DELIVERY

6-5-2014, मंगळूर - 2 कोकंणी पुस्तकांचे विमोचन कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकादमीन केल्लें। कोच्चीचे के. अनन्त भट् हांगेले **"फूल अनि कण्टो"** म्हळेले पुस्तकाचे उजवाडावप फा. मार्क वाल्डरान केल्लें। डॉ. अरविन्द शानबाग हांगेले **"मेघदूत"** म्हळेले भाषान्तर पुस्तक पी. बी. हरीश राय हान्नि उजवाडाय्लें।

19-25 मेय 2014 :- कोच्ची 'प्रभाकर ज्योती' सदनान्तु कोंकणी सप्ताह चम्कीलें। कोंकणी केन्द्र-गोश्रीपुर अनि अनुग्रहा चारिटबळ ट्रस्ट हांगेले संयुक्त आभिमुख्यार 5-14 वर्ष प्रायेचे चेर्डुवाँ खातिर चम्केय्लेले ह्ये सप्ताहान्तु लोकगीत, गीन्त, चरित्र, इत्यादी सिक्केय्लें। डॉ. स्वर्णलता जी. पै, श्यामळा एस. प्रभु (नगर सभांग, कोच्ची), नवीन आर. पै. (सदस्य - अ.चा.ट्र.), के.एन.आर. भट अनि एम. लक्ष्मण किळिकार (कार्यदर्शी - कों.के-गो.) हान्नि दिव्ली लाव्नु त सप्ताहाचो शुभारंभु केल्लेलो। डॉ. स्वर्णलता जी. पै, सुशीला टी. भट, गोश्रीपुरं हरिकुमार, के. एन. आर. भट, वसन्तकुमारी पी. एस, एन. बालकृष्ण मल्या, सोमलता आचार, ताराबाई, के. अनन्त भट, आनि बी. उमेश कम्मत हन्नि कोंकणी सम्बन्धी कयरिं संगून दिल्लीं।

कोंकणी मोगी एन. सदानन्द कम्मत हन्नि 10 जनांक 'गोश्रीपुरेश उपहारु' दिल्लो। अब्बोन, बप्पान सग दकेय्ले वट्टेन, कोंकणी प्रवर्तन कोर्चांक अस्सी उपहारु दीव्नु एत्ता। इतर जनांक ह्यें मार्गदर्शक जाव्नु अस्स। संस्थे तरपेन एन. सदानन्द कम्मत हंक्काय एकु उपहारु दीव्नु मानु केल्लो।

D.D.9, चन्दना : 11, 17, 25, 31 मेय 2014 - एम. एस. कामत्त अनि सांगातीगेंले 'गीत रामायण' कार्यक्रम अस्सिले।

08-05-2014, मंगळूर - कर्णाटक संस्थानान्तुले प्री यूनिवेरसिटी परीक्षेन्तु प्रथम राँक फाव जलोलो **जी. वेंकटेश कम्मत** (जी. सुरेश अनि सुधा कम्मत हांगेलो सुपुत्रु)। द्वितीय राँक फाव जालेली **पूजा बाळिगा** (राधाकृष्ण अनि चन्द्रिका बाळिगा हांगेली सुपुत्री)। दोग्गयि कानरा हाई स्कूळान्तु शिक्किल्लीं। *Courtesy : GSB Facebook*

With best compliments from :

KARTHIKA TIMBER TRADERS

Timber Merchants & Commision Agents

9/1006 (9/1004 B-New) Anakettu Parambu, Pandikudy Road, Cochin - 682 002
Ernakulam (Dist.), Kerala. E-mail : karthika_2008@vsnl.net

R. Venkateswara Pai
Mob : 9847200121
9656210695
Ph : 0484 2210695

Suppliers & Manufacturers of Rubber Wood Packing Cases and Materials

मनाचें पाळ-9

कृष्ण नारायण नायक, कोच्ची

"श्री नरसिंह अवतार"

देवाले द्वारपालक जयविजयांक छटने सल्प मति विकल्प। देवालागि बलपरीक्षेक विकट वांवट। सर्वत्र संपूज्यमुनि श्रेष्टांक श्रीहरि भेन्टेक प्रवेश निषेध। असुलभ सौभाग्यावस्थेन्तु मुसमूस। बोक्को उटायलो; शापग्रस्त जाले। हिरण्याक्षवध भूमी मोचन वराहावतारान केलें, देवान। जल्यारि हिरण्यकश्यपूलें गर्व भयंकर; प्रताप प्रचण्ड। चढतावत चराचरवर्गाक अरक्षा। पद्मजवरान स्वाभाविक मृत्यु मुखं दाम्पून सज्जनांरि शौर्य उसून पराक्रम। कुनीति वृष्टि। धर्मप्रिय शरणांगतानि सबार रोंजूचेंवें? स्थिति सन्चालक महाविष्णून अपूर्व तन्त्र आविष्कार केलें। हिरण्यकश्यपूले दम्भ ध्वंशनाक परमभक्त नियुक्ति। तापसकाल स्मरणेन्तुलें रम्य पार्श्व दृश्य अठौन दुसदुसेरि अज्ञात नारायण नाम उचारण कोर्नु गर्भादान केलें, हिरण्यकश्यपून। सर्वसमय नारायण नांव गुन्जेवंचे नारद महामुनि आश्रम वातावराणान्तु कारणान्तरान कयादूलें गर्भपोषण। सहज परिणाम। भूजात शिशु अखण्ड नारायणोपासकु। दिव्य भव्य प्रह्लाद जननान आह्लादोदय। प्रतिकूल परिस्थिति। पुण हरिप्रीति प्रभावान्तु प्रह्लादालि वाडि विकास। सासु प्रयत्न पावले, प्रह्लाद पित्रकल्पित पथारि अटापना। तवळि प्रह्लादाक वेच करुक असंख्य षडयन्त्र। वक्र उद्यम सग फण्ण। दौत्य बापसूनचि ताणु कळें। कोपावेशान्तु "दाकेय नारायणाक" म्हुण चुनौतीन लागी खमभ्यारि घनिष्ट खड्ग प्रयोग। ... गर गर गर गर गंभीर गर्जनान प्रकटलो विचित्र अवतार। हाहाकार, उग्र, संग्राम। समय-त्रिसन्ध्या, तल-हुम्बरापोडि, मनिश न्हय मृगयि न्हय, संयोजित रुप "नरसिंह", नखायुध मात्र.... निबन्धनो सगी पूरण कोर्नु ताका अतीत मति वैभवान हिरण्यकश्यपूक मुक्ति। प्रथमलि कायबल परीक्षा समाप्त। हरि भक्तीन अगणित त्रास अनुभसिले खातिरि, विलम्बित संरक्षणे खातिरि परमात्माक मनःस्ताप। प्रह्लादाले समुचित स्तुतीन परमात्मालें क्रोध शमन।

आजि हांगा थांगा खंय खंय श्रीलक्ष्मी नृसिंह मन्दिरं भवनं सदनं स्थापनं। देव प्रसन्नतेक प्रसादाक। भक्तकोटींलि प्रार्थना आदरार्पण। स्तुति स्तवन.... पाठ, विधिवक्त, पूजन, उत्सवाचरण, जयन्ति आघोष। अक्षय यश अमर पद अतुल्य सद्गति अवर्ण्य संतुष्टि सर्वोपरि धर्माभिवृद्धि प्राप्त जांवचाक, जावो, जांवका। पुण सत्य धर्म न्याय नीति विरुद्ध प्रवृत्यो क्षमेवचो न्हय, सज्जन पीडन निस्संग सहन कोर्चो न्हय, भक्त रक्षेक दुष्टशिक्षेक जाग्रत महामूर्ति श्री लक्ष्मी नरसिंह म्हुण उडगासून तदनुसृत सर्वांक सेवाव्रती आसूया।

With best compliments from :

Sree Balaji Curtains

duroflex

Sulfex

N. Cherlai, Kochi - 2. www.keralaspicy.com

Mob : 9745201545, 9645001545 Office : 3068255

Kurl-on

Curtain works, Upholstery works, Blains works, Bamboo Curtains & All kinds of furnishing works, Aluminium Fabrication, Sintex works, Mosquito Netlon works

AMBIS RESTAURANT

CC. 8/1216 A, T. D. North Gate, Kochi - 2

Sister Concern :

AMBI'S DISTRIBUTORS

CC. 8/1216, T. D. North Gate, Kochi - 2.

Prop : R. KRISHNAKUMAR NAIK
Ph : 9388505339

Distributors of All types of ELITE CAKES

AMBI'S FOOD PRODUCTS

Pappad, Fryums, Sauwari Kondattam etc.

With best compliments from :

MEI

For all your requirement in Electro-Medical Equipment in the field of Psychiatry, Physical Medicine Alternate Medicine and Cardiology

Contact :

Mohan's Electronics & Illuminators

941/44, Parinamam Road, Kaloor, Kochi - 17
Phone : 0484 2530788 9847335788
E-mail : dasmohan60@gmail.com

Please visit our Website for full range of Products :
www.mohansmedico.com

बुद्धन्तु

- ए. आर. प्रभु, कोच्ची

एक व्होळ्ळो दम्मेलि अस्सिल्लो। तगेले घरान्तुले दंदाक दंदेल्या रबेलो जल्यारि अधिक समय जाँवचे भित्तरि तो काम सोणु वत्ता अस्सिल्लो। ते इत्या जत्ताले म्हळ्यारि तो दम्मेलि व्होळ्ळो पिसको अस्सिलो। वुणे दामु चेलव (खर्चु) कोर्नु जायते काम कोरोवंचा चोयतालो। तस्सि तागेले घरा काम कोरूक कोण ना जल्ले।

एक दिस्सा एक बुद्धन्तु सनप्राये मनुष्यु थांगा काम कोरूक एयलो। दम्मेल्यान कसकसले काम कोर्का म्हुण दंदेल्या लागि सांगिले। काम कोरूक तो दंदेलि तय्यार जल्लो एक उत्तराचेरि। तो त जावनु दंद सोणु वत्ता जल्यारि एक लक्षु दामु (रुपया) धनिया तो दित्तोलो, धन्नि तं तक्का कामान्तु थकून भायर घालता जल्यारि धनियान तक्का धा लक्षु रुपया दींवका। या उत्तरारि काम कोरूक आरांभिले। गाँयक खाण दीवप, घरा उद्दाक भरप सग अस्सिले। एक दिस्सा उद्दाक भोरुक सांगिले। धन्नि भायर गेल्लेले वेळारि घरा कवड (बागिल) बन्द कोर्नु मोटरान बायन्तुले उद्दाक भोरुक आरांभिले। घरा कूडान्तु उद्दाक भोर्नु घर सगळे तिम्मुनु नाशु जल्ले। धन्नि वापस एवचानिक दंदेलि भायर बेसला। घरा जनर्लान्तुल्यान उद्दाक भायर पडता। घर उद्दारि कोरुक जायना। उद्दारि केल्यारि उद्दाक भायर एत्तले। तस्सले सन्दर्भारि ते दंदेल्याक कामान्तु थकूनु भायर घालका जल्ले। धा लक्षु रुपया दीवनु त्या दंदेल्याक कामान्तु थकूनु भायर घल्लो। पिसको धनियाक तस्सलि एक शिक्षा ते बुद्धन्तान दिल्लि।

कौतुक वार्ता

- रजनी. के., कोच्ची

लण्डन :- टिप्पु सुलतानाले भंगरा मुदियेक 1.42 कोटि रुपया ! आषावें शतकान्तु मैसूर लागी श्रीरंगपट्टनम हांगा ब्रिटीषकारांलगी युद्ध कोर्नु मरण पाविले टिप्पूले हथान्तु आसीले मुद्दियेर देवनागरीन "राम" म्हणु आलेखन केल्लेले आसा।

प्रश्नोत्तरी

1. ज्ञानपीठ पुरस्कारु मेळ्ळोलो कोंकणी साहित्यकारि कोण ? - रविन्द्र केळेकार
2. कोंकणी आधिकारिक भाषा (Official language) जाव्नु अस्सिल्ले भारतान्तुले संस्थान खंचे ? - गोंय
3. कोंकणीन्तुली प्रथम चित्रकथा खंची ? - श्रीसत्यनारायण व्रत कथा - सचित्र कोंकणी भाषान्तर।

With best compliments from :

SRV ENTERPRISES

8/92 D, Ramnath Lane, South Cherlai, Mattancherry, Kochi - 682 002
Ph : 9447735808, 9349299003

Wholesale Tea Merchants

नाटक गान

रक्षकु तूं उद्यानेश्वरा
मोक्षु तूं दीरे श्रीपरमेश्वरा
कैलासनाथा - तृशूलधारा
उमा महेश्वरा श्री जगदीश्वरा (रक्षकु...)

मधुर-मधुर तुज्जें सुन्दर नाम
स्वीकारु करी तूं अम्चें प्रणामॅ
नामस्मरण तुज्जें सद्कीर्तनान
सद्गति दीवनु राक तूं सर्वांक (रक्षकु...)

धिमिकिट ताळान - दुन्दुभी वाद्यान
अभिषेकु करताय जलधारेन
सद्भावनेन - भय भक्तीन
भजिताय नित्य तुग्गेलें नमनॅ (रक्षकु...)

पुष्पालङ्कारान आनन्दु मेळता
दीपालङ्कारान उजवाडु भरता
मन्त्रॅ तें अम्चें अहङ्कारु सोडता
जीवित अम्चें पूर्णता पांवता (रक्षकु...)

नाटक -"**कपला बोरो**" (04-03-2000)
स्थल - उद्यानेश्वर (कोच्ची) देवळाकडे
अवतरण - भुवनेश्वरी कला केन्द्र, कोच्ची
संविधान - के. मंगळदास प्रभु. कोच्ची
नाटक रचयिता - एस. मुरळीधर शेणै
गानरचना - वी. सुरेश शेणै, कोच्ची
संगीत संविधान - जी. मुरळीधर शेणै
गायक - विद्या एम. पै

नवनीत चोरा

- कु. अञ्जली किणि, कोच्ची

तू विना ह्ये जीवन अर्थ शुन्य
तूंचि ह्ये लोका आधार
अंचेरी सदा कृपा कर
नवनीत चोरा नन्द कुमारा।।

फुल्लांचो पोरमोळु तूं
दिव्याचो उज्वाडु तूं
आहाराचो स्वादु तूं
ॐकाराचो नादु तूं
तूंची गीन्तु तूंची रागु
तूंची स्वर तूंची अक्षर।।

तानेल्याक उदाक तूं
भुकेल्याक खाण तूं
चेर्डुबाळांक आवसु तूं
शिष्यगणांक शिक्षकु तूं
तूंचि कारणाचे कारण
तुजे चरण मेजे शरण।।

मूसु - ഈച്ച - Fly

- शैलेष कम्मत. एम., कोच्ची

गंदार्ली मूसु - കടന്നൽ – Wasp
किम्मूसु - കൂവീച്ച – Gnat
म्होंवा मूसु - തേനീച്ച – Honey bee
पोट्टो मूसु - മാട്ടീച്ച – Gad fly

With best compliments from :
K.J. Udayakumar
Mob : 9846038317
9846443179
NAVODAYA GARMENTS
CHERLAI, KOCHI - 682 002
SAREE & CHURIDHAR MATERIALS AVAILABLE

वाट दिली

- सुनील पालकार, नावशी, गोंय

पोटाक भीख दिली भेंडार खोंट दिली
तोंडाक तालें मारुंक हातांत नोट दिली

भितर सरले म्होडून आडे गोंयडे
भयान आमीच तांकां वाट दिली

गळसणलें कशें काय निजाचें आत्मबळ
स्वताच्यांच हातानी तकलेर कुट दिली

राती जागोवपी वांय्याक आयले दीस
घेताले विसव घडीभर ती खाट दिली

जागी जाली जेन्ना अस्तित्वाची सासाय
वसुंधरेन इल्लीशी उज्या कीट दिली

पेट्टना पळेलें काळजानी उज्याचें रण
वतना वाटेन परतिचे फूट दिली.

वन्दे गोविन्दं सदानन्दं भक्त जनानन्दं

(रागु मोहनं) - स्व. एल. नारायण मल्या
(लिप्यान्तर : एन. लक्ष्मण मल्या, कोच्ची)

यशोदनन्दन कंसविमर्दन
पूर्णचन्द्रानन गोपाल श्रीकृष्णा (वन्दे)

गोपिकावल्लभं दुर्ज्जनदुर्ल्लभं
सज्जन सुलभश्री पंकजनाभा (वन्दे)

कोमळगात्रा परमपवित्रा
पंकज मित्रा पांडवमित्रा (वन्दे)

नवनीतचोरा जगदेकाधारा
सर्वचराचर हृदयान्तर्वासा (वन्दे)

काळियमर्दन मुनिजनरंजन
नित्य विशुद्ध विशिष्ट स्वरूपा (वन्दे)

श्रीनारायण नाम भक्तजनप्रेम
सर्वकामदायक गोपाल गोविन्दा (वन्दे)

दशावतार वर्णन

(भामिनि काव्य) - नागेष अण्वेकर, कारवार

कृष्णावतार

नन्द गोवळ मेळन बाळपण
मन्द मनुषक गीतयम्रत
सन्धि मेळतन दंतवक्रादि कंसकुडैलो।
निन्द कारळ मगध वधैनु
बन्दि सुजनक मुक्त रक्ततो
मन्द रागिरिधर लततारक नमःमणय।

देह (तन) चि 9 अवस्था



1. बीज (निक्षेप/ प्रवेश)
2. गर्भ
3. जन्म
4. बाल्य (5 वर्ष थांयि)
5. कौमार (16 वर्ष थांयि)
6. यौवन (45 वर्ष थांयि)
7. वयोवृद्ध (60 वर्ष थांयि)
8. जरा
9. मृत्यु

With best compliments from :

IMC The Complete Digital Store
International Marketing Co.

39/4755 A, IMC Tower, Madhavan Nair Road,
Ravipuram Jn., Ernakulam, Cochin - 16.
Tel : 0484-4135000,4135001, 3018068,
3018067, 3018070, 3018069, 2374820
Fax : 0484 2374820
E-mail : imc@asianetonline.net

AUTHORISED DISTRIBUTOR FOR DELL™ AND SONY
Dealers in Computers, Peripherals, Network Solutions

थन्नेचें दूध

सुशीला टी. भट, कोच्ची

1995 डिसंबरान्तु मंगलापुरं दवोर्नु चम्किल्ले प्रथम विश्व कोंकणी सम्मेळनान्तु प्रस्तुत केल्लेली कविता।

अम्मानू ! तुमीं वंचित केली मू अमकां,
तुमचे थन्ने अमृत पीवोनात्तिल्लें,
मोगु-ममता प्रकट कोरनात्तिल्लें,
वाड्डयलीं कृत्रिम दूध दीन्नु अमकां.

प्रकृतीन स्त्रीयांक दिवंचे वरदान,
कळंकित केल्याय तुमी नीच स्वार्थान,
विद्रोह केल्याय अपण्याले बाळांचेरी,
देवान सरी क्षमा करचीना तुमचेरी.

थन्नां चेर्डुवांक पीवेयता जाल्यारी,
नष्ट जातली भव्य आकृती शरीराची,
लुप्त जातलें यौवन, पुष्टी, कान्ती,
सिखेयलेंलें कोणे गे तुमकां अशी ?

वारेदेन्टान्तुल्यान प्रारंभुच्चें बन्धुत्व,
थन्ने दुधान्तुल्यान सुदृढ जात्ता संत,
माये-ममते दोरियेन जाता बन्धित,
चेरडालें-अवसूलें तें सौहृद पवित्र.

सर्वांपशी प्रथम मातेक मानु दिवंचो
सर्वोत्तम संस्कारु अमचे भारताचो
विसरून तुमी धावलीं मू मगल्यान,
पाश्चात्य संस्काराक करनु अनुकरण.

जाल्यार आज वारें परतून मारता,
स्तन-पाना महत्वाचें उद्घोषण जाता,
"लोकारोग्य संघटना" हंतु काम करता,
सगळेच जगांत हाजें चळ-वळ चलता.

थन्नां पिवोवंचाक अवसूक प्रेरणा दित्ता,
सामिप्य बाळांक अवसूलें, जायी म्हणता,
अम्माले चेरडाले आरोग्याक मानु दित्ता,
वैकारिक बन्धाचोय आदरु करता.

"मातृसंकल्पु" अति विशिष्ट भारताचो
अन्य खंचे देशान्तूय प्रचार नत्तिल्लो
उत्तम कुटुंबाक मूलाधारु जावंचो
पुराण-इतिहासांत वर्णन केल्लोलो.

हें सत्य विसरून हंगा धावंताय जनां,
परिष्कारु म्हळ्ळेले 'पिशाचाचे' मागल्यान,
अस्त-व्यस्त जाताय कुटुंब-बन्ध हाजान,
अस्तित्वाची नष्ट जाता कुलांचें क्रमान.

आयकाय गे ! आजीचे अवसूनु तुमीं
फायचे पिळगी पसून व्याकुल अमी
सार्थक कराय तुमी जननीलो धर्मु
पीयूष पीवोवनु चेरडालो जन्मु. ❁

With best compliments from :
Proprietor :
Sivaram B. Prabhu
PRABHU'S Banana
Wholesale Banana Merchant
Basin Road, Ernakulam, Kochi - 682 035
Phone : 0484 - 2381342
Mob : 98470 56521

औषद पंक्ति - 28

अज्जेलीं वोक्कदा

(मुत्तश्शि वैद्यं)

सुशीला टी. भट्, कोच्ची

पत्थ्य :- चांग कोरनु पत्थ्य पालन कोरका जल्लोलो रोगु तां कळकोयी. तेल्लान्तुलीं, तुप्पाची खाणां, नारलु वट्टून कोरच्यो रावंदयो, धान्या रावंदयो हे सग्ग वर्ज्य तां. तेल घालनु न्हाणय नज्ज. मिट्टा बदलाक इन्दुप्प (वोक्कदा मीट) तां घालयात. प्रधान आहारु जावनु वोरवा पेज तां दीवप.

आहारू :- धान्यांतु दवोरनु मूगु मात्र दित्तलीं. मूगु जावो मूगाची दाळी जावो सिज्जोवनु उंचावले उद्दाक गोड घालनु रोग्याक दित्तलीं, इट्कीरे भज्जी (सोप्पूर भज्जी, ചെറുചീര) अस्सले सग्ग सुक्के पोड्ग्यांत सस्सम मात्र फण्ण घालनु इन्दुप्प घालनु सिज्जोवनु दीवप. रोगा स्वल्प शमन आयल्यार गोडची मेळांय, उडदाचें सन्दण, इड्डली हें सग्ग दित्तलीं. नन्दरबाळें केळें उक्कोणु दित्तलीं. मूत फूट जवंचाक आरांभीता तशीच बाकी तराचीं केळींय मित रूपान दित्तलीं. पडत्ति केळें, सूरणु, सोप्पुर कूकय दीवयात.

पोणोसु (पिक्कलो जावो जीवो जावो) आनी पोणसाचें विभव निषिध तां. पोणसा फळ्याचे माणायेचेरि बेस्सुचें तस्सीच खोल्ली तोप्पून पेज पिंवचे पर्यन्त वर्ज्य तां.

अशी श्रद्धेन चिकित्साय शुश्रूषाय केल्यार हो रोगु मारक जावनत्तिल्लें मोचन पावंयात.

गुल्लीयो कित्ति सांगताय - 1

एन. बालकृष्ण मल्या, कोच्ची

मनीसु आनी हें अनंत संसाराचे मदें संबंध एका लागी एक बन्दून सुदृढ आसा. मानव जीवनाचे सर्व भागाकय स्पर्श करचो तां हो अज्ञात संबन्धु. हक्का विविध प्रकारान सूक्ष्मरूपान विशकलन करून उजवाडार हाडचें प्रामाणिक शास्त्र तां "ज्योतिर्विज्ञान". साधारण जनां ज्योतिष म्हूण नांवार उल्दूचे हें शास्त्राचे जन्म खंय-केद्दाणा म्हूण सांगून-मनांत करूक प्रयासु जात्तोलो. किति म्हळ्यारि मनीसाले इतिहासाचे तुतलेंचि पर्णे जावुयात हे शास्त्रय. मनीसान तागेले जीवितांतु ताक्का योग्य जल्लेली दिनचर्या सुयोजित जावनु पालन करूंक निश्चयु काडलेले थकून ज्योतिष शाखेचो उदयु जालो म्हूण सांगूयात. मागीरि जीवनाचे सर्व अंशांतूय हे शास्त्र शाखेन समावेशु केल्लो.

एक जन्मान ज्योतिर्विज्ञान समूल कळूका म्हण्चें साध्य जल्लेली कैरीं न्हय. पुस्तक पाण्डित्यय तज्जे अनुसार बुद्धीय गणितशास्त्रांतु असाध्य शिखवणय आसून मात्र कोळचे न्हय देवाली कृपाय लगेन आसा जल्यार मात्र पूर्ण मेळ्ता हे शास्त्रान्तु परिज्ञान. कठिन जावूनस्सिल्ले विषयांतु वोच्चूनत्तिल्लें ज्योतिषाचे पासून सामान्य जाणकारी (शिखवण) दिवंचाक तां हे पंक्तीचे वाटेन निश्चयु काडला.

(..शेष लगी अंकान्तु)

With best compliments from :

Phone : 2384678, 3042529
Res : 2371326
Mob : 98953 00868

VASUDEV AGENCIES

40/8740, T. D. East Sannidhi Road, Ernakulam, Kochi - 682 035

GI Fittings, CP Bathroom Fittings, GM Valves & Cocks, PVC Pipes, PVC Valves, Pipe Fittings

सुभाषित

माया जी.कम्मत
कोच्ची

"सत्यं माता पिता ज्ञानं धर्मो भ्राता दया सखी।
शान्तिः पत्नी क्षमा पुत्रः षडैते मम बान्धवाः।।

सत्यं जाव्नसिल्ली आवसु, ज्ञान जाव्नसिल्लो बप्पूसु, धर्मु जाव्नसिल्लो भावु (भावण्ड), दया जाव्नसिल्लो/ल्ली मित्र, शान्ति जाव्नसिल्ली पत्नी, क्षमा म्हळोलो पूत्तु - यीं स (6) तं मिग्गेलीं बान्धव।

गोंय आनी केरळ कोंकणींतलें अंतर

- एन. बालकृष्ण मल्या, कोच्ची

हेर = एक एक, प्रत्येक
पयले = आद्यचे, प्रथम
हस्तुकीं = हात्तान
बरें = चांग
बरेंपण = चांगपण
तांच्या = तांगेले
नावाळो = नांवाचो
अपोवप = उल्दप

केरळ-कर्नाटक कोंकणी

- गुरुदत्त एस. प्रभु, कोच्ची

कुटुको विण्चे/चिम्टो काडचे - चिम्टूचे
मोल्या उंचारि - घाटा वयरि/गुड्या वयरि
चड घेवनु बेसूनक्का - सबार घेवनु बेसूनक्का
तुगेले चान्द्र व्हयि - तुझान व्हयि
तुम्काचि म्होणु ह्ळ्ळेले - तुम्गेले खतीरीच ह्ळ्ळेले
संगील्या भायर ना - उत्रा भायर ना
सल्पीरि घेम्बु - किरगणे तम्बीयो
घपक जल्ले - ढसका जल्ले

भक्ति गानामृतं

- के. शान्ता बाई, कोच्ची

देवु अम्गेलो श्रीनिवासु
गोश्रीपुरान्तु केल्लो वासु
देवा कर्तायि नित्य आघोषु
श्रीनिवासा! स्वीकार करी अम्गेली सेवा।।

देवु चोयलारि परमानन्दु
भक्तालें मन्त्रांतु जल्लो सन्तोषु
देवा कर्तायि कल्याणोत्सवु
श्रीनिवासा! लक्ष्मी सहित दींवका दर्शन।।

देवु चोयलारि सानि मूर्ति
चौदायि लोकान्तु व्होडि कीर्ति
देवा दकेयतायि भंगरा आर्ति
श्रीनिवासा! स्वीकारु करी
अम्गेलि आर्ति।।

दकेय देवा तुगेले दर्शन
तुक्का कर्तायि पूजन अर्चन
स्वीकारु करि अम्गेले अर्चन
श्रीनिवासा! धरारि दींवंका तुगेले दर्शन।।

With best compliments from :
Ramanand Kamath
Phone : 0484 2362426
ॐ
Mahalakshmi Metals
XL/3471, Sree Vasudeva Buildings, Jews Street, Ernakulam - 682 031
Dealers in Aluminium Vessels

कारत्या उम्माण

बायलाँ खातिर (ददल्यांकय) - पत्मजा कामत, नोयडा

सामग्री

1.	कारातें	- 150 ग्रां	7.	जीरें	- ½ चिपट
2.	कूक	- 100-150 ग्रां	8.	मेत्ती	- ½ चिपट
3.	अवळ्या मण्डे*	50 ग्रां	9.	उडदा दाळी	- ½ चिपट
4.	अम्बो/तक्काळी	- 25 ग्रां	10.	करबेवा पत्ती	- 2 देण्ट
5.	सुक्कि मिर्यासांग/	- 5-6	11.	तेल	- 2 चिपट
	मिर्यापिट्टो	- 1½-2 चिपट			
6.	ससम	- ½ चिपट	12.	मीट	- आवश्याक

कूक बेडुप कोर्नु चतुरायेन कुटके कोर्का। अवळ्या मण्डे बाळूक कोर्नु सिन्दुका। कारातें एक इन्च दिघायेन कुटके कोर्का। ये सर्वय दोनि-तीनि कप्प उदकान्तु चांग प्रमाणी सिज्जोवंका। नन्तर मीरे वट्टिलें/मिर्यापिट्टो अनि मीट एवं अंब्या कुटके/तक्काळी कुटके घालनु खोतकोतो काडका। दाट जल्यारि उदाक मेळोव्यात। उण्डाळो काणु उज्जारि थकून खल्ला काणु दोवोर्का। पोडग्यान्तु तेल तप्पोवनु, ससम, जीरें, मेत्ती, उडदा दाळी अनि करबेवा पत्ती धालनु फण कोर्नु रवंदयेन्तु मेळोवंका। यें उम्माण जेवणा लगीय उडदा खाणा लगीय एक स्वादिष्ट कूट-रवंदेय जत्ता। (*अवळ्या मण्डे हन्तु निर्बन्धु ना।)

गोश्रीपुर

- एन. सदानन्द कम्मत, कोच्ची

वैकुण्ठवासा श्रीत्रैलोकनाथा
वैकुण्ठवासा श्रीत्रैलोकनाथा
गोश्रीपुरेशा लक्ष्मीश्रीवेंकटेशा
गोश्रीपुरेशा लक्ष्मीश्रीवेंकटेशा

गोश्रीपुरान्तु जन्मु घेंचे होळ्ळे सौभाग्य
गोश्रीपुरेशु दित्ता अम्का दर्शनभाग्य
अदृश्यरूपांन नारायणदेवु करता रक्षण
अनन्तशक्तीन वेंकटेशु करता रक्षण (वैकुण्ठ..)

विघ्न सर्वय नाशु करता श्रीगणपती
सर्व सौभाग्य प्रदान करता श्रीमहालक्ष्मी
रामनामजपु कर्ता श्रीहनुमन्तु
सहस्रनाम ध्यान कर्ता गरुढश्रेष्ठु (वैकुण्ठ..)

रथोत्सवु महोत्सवु पुण्यप्रधान
गरुढोत्सवु ब्रह्मोत्सवु भक्तिप्रदान
श्रीचक्रस्नाना दर्शन मुक्तिदायक
नित्य देवा दर्शन अम्का जत्ता मोक्षदायक्
(वैकुण्ठ....)

With best compliments from : Ramanand Kamath

Sri RajaRam Traders

Dolls & Toy Shoppe

XL/3488, Sri Vasudeva Bldg., Jews Street, Ernakulam, Cochin - 682 031
Phone : 0484 2353520 E-mail : mailramz@yahoo.com

कोंकणी गज़ल - के. अनन्त भट्ट, कोच्ची

कसल्याक ?

लेकिल्लें कार्य सुलभ जाल्यार प्रयत्न कसल्याक ?
लोकु हो मोल दीना जाल्यार रत्न कसल्याक?।।प.।।

अहित अन्याक कोर्चें तसलें धन तें कसल्याक?
मोहाचे संसारांतु बुढचें मन तें कसल्याक?।।1।।

केवल खाणा खातिर राबचें जीवन कसल्याक ?
जीवन लोका खातिर जावचें पावन कसल्याक?।।2।।

पोट भोर्नु भोंवचे मनीषाक जेवण कसल्याक?
वाट आडवाट समझना तसलें प्रयाण कसल्याक?।।3।।

आपण्याक अहित कोर्चें अन्याक दिवचें कसल्याक?
उपकारु कोर्चे मानवान भिवचें कसल्याक?।।4।।

दिवसा उजवाडांतु दीवे जोळोंचें कसल्याक?
पावसा कूप चातकान पोळोंचें कसल्याक?।।5।।

समुद्रांतु तो काण्डणा पावसु पडचो कसल्याक?
समयु दुःखाचो येवनु मनीषु रडचो कसल्याक?।।6।।

विनयु मनांतु हाडना तसली सिखवण कसल्याक?
मनांतु दैविक भावना नातिली आठवण कसल्याक?।।7।।

झगडें परस्पर करौनु घालचे धर्म कसल्याक?
मोगोचें जीवन करना तसलें कर्म कसल्याक?।।8।।

शपथ पालन करना जाल्यार दिवचें कसल्याक?
आपण बरें काम करताना भिवचें कसल्याक?।।9।।

अधर्मान पापाचें धन तें जोडचें कसल्याक?
बुधवन्तान बरें काम तें सोडचें कसल्याक?।।10।।

New/Renewal of subscription of 'SPANDAN'

1 Year : Rs. 60/-
5 Yrs. : Rs. 300/-

1) By RTGS/ NEFT - Our A/c. No. 43072010010882 (IFSC Code SYNB0004307) with Syndicate Bank, Cherlai Br., Please inform us also by Postcard / Email.
2) If by DD/MO- favouring 'Kerala Konkani Academy' and send to Suresh A. Shenoy, X/1614, Maruthi Vihar, Amaravathy, Kochi - 682 001.

कोंकणी कार्यक्रम

दूरदर्शन-चन्दना

इंगलीश मासाचे
दुसरे अनि चौते आयतराचे
3.30 p.m. - 4.00 p.m.
पुनःप्रसार : मुकावेले शनिवाराचे
11.00 a.m. to 11.30 a.m.

आकाशवाणी

कोज़िकोड - मंगळाराचे
5.00 p.m. to 5.15 p.m.
तृशूर - मंगळाराचे
5.15 p.m. to 5.30 p.m.
धारवाड - सोमाराचे
9.30 p.m. to 10.00 p.m.
(जायी - जूयीं कार्यक्रमु)

With best compliments from :
Mob : 9388602705
Nimisha Flour Mill
8/97, Cherlai, Cochin - 2
Dealers in Kairali Brand Sambar Powder

रस्पति - आर. के. प्रकाश, पळ्ळूर

Dr. P. N. N. सिंह
डॉ. प्रश्नु ना नरसिंह
SSLC, PDC, BSc., MBBS (3 times)

विश्वामित्र भट्ट : काली डॉक्टरान सेनच्युरी मारली म्हणु नरसान सांगीलें। वर्ष प्रायेरीय क्रिकट खेळप आसा न्हवें, डॉक्टर ?

डॉक्टर - शंबर मुंब्रांक मारलेले कायरीं तं तीणे सांगिलें।

* * * *

गोपी : पिणसो एवनूच आसा। डॉक्टरान पयरी दिल्लेली राग गुळियोय तीन-तीन वेळाय नांकान्तु चडेयलि। रक्षा ना डॉक्टर ?

डॉक्टर - प्रश्नु ना, गीळूक दिल्लेलि गुळियो नांकान्तु सिर्कूनु मोर्नत्तिले देवा भाग्य !

चेर्डुवांलि चित्रं

कु. अभिजित. ए. (8)
अजित्त एस. कम्मत, कोच्ची अनि गायत्रि हांगेलो सुपुत्रु।

आळें (കടങ്കഥ / Riddles)

- के. पुरुषोत्तम पै, कोच्ची

लोकान्तु दिकूचे व्होड एक फळ तें
फळ म्हणु तक्का कोण संगनांयि।
एक रुकारीयि नत्तिलें फळ तें
सक्काणींय सांजेय पिक्कूचे फळ तें
रात्तीचें नित्य तें निपूनु वत्ता मूं
ताजेरि मोगान सर्वयि प्राणीय
तग तगेलें सर्वय काम कर्ताय ते
अपडूक, काडूक, चोंवचाक सरी तें
कोणाक जंवचिना चोय्याय तुम्ही
खांवचे कायरीं तें कसलें संगूक
त्या फळा नांव तें तुम्ही संगाय बालानो
बुध्येन चांकोनु चिन्ता कोर्नु।

आदित्यु

परणी म्हणणी

- श्रीदेवी सुरेश प्रभु, कोच्ची

- नंचूक कळना,
  अंगण वंकूडे खंय !
- अय्ये तेरावो म्होणूयि जल्ले
  घारि खेल्ली म्होणूयि जल्ली।
- दिक्किल्याचेर मात्र विस्वासु
  जांव्का, आय्किल्याचेर न्हय !
- वार्यान्तु उब्बलो कपूस
  हत्तान्तु (मुट्ठीयेन्तु) मेळना।
- जाल्नु गेल्लेलीं कर्यीं उडगासु
  कोर्नु रडप अस्सवे? (रोणु कर्यीं ना)

With best compliments from :

Phone : 2877682

രുചിയേറും
ഭക്ഷണത്തിന്

KAMMATH HOTEL
(VEGETARIAN ONLY)
ERAMALLOOR P. O.

श्रीमद् भगवद्गीता भाषा

कोंकणी अनुवादकु :

इन्द्रकांत वासुदेव शेणै

कोंकणी साहित्य यज्ञ माळा -1 (1981) हंतूली प्रस्तावना

आमी आभारि ⇨

ईन्द्रकान्त शेणैले कोंकणी कामान्तु एक प्रधान काम आसा श्रीकृष्णाले जनन थाकून आसीली कालगणना। ह्यें आमी ऊण-ऊणे जान्नु हांगा अनुवाचकांक परिचयु कोर्नु दित्ताय।

(जनुवरि 2014 अंक थकूनु ....)

आर्य रायाले नांव			शासन कालु		
			वर्षं	मासां	दीस
२५.	श्रीमन महाराजा	अलंबिक	५०	११	८
२६.	"	उदयपाल	३८	७	०
२७.	"	भुवनमल्ल	४०	१०	२६
२८.	"	धमात	३२	०	०
२९	"	भीमपाल	५८	८	८
३०.	"	क्षेमक	५५	११	२१

महाराजा क्षेमकाक तागेले प्रधान सचिव विश्रवा हाणे वध करनु तागेलें शासन सुरु केलें. विश्रवाले वंशान्तुले १४ रायांचे विवरु असि -

१.	श्रीमन महाराजा	विश्रवा	१७	३	२८
२.	"	पुरसेनी	४२	८	२१
३.	"	वीरसेनी	५२	१०	७
४.	"	अनन्तशार्या	४७	८	२३
५.	"	हरिजीत	३५	८	१७
६.	"	परमसेनि	४४	२	२३
७.	"	सुखपाताल	३०	२	२१
८.	"	कद्रुत	४२	८	२४
९.	"	सज्ज	३२	२	१४
१०.	"	अमरछोड	२७	३	१६
११.	"	अमिपाल	२२	११	२५
१२.	"	दशरथ	२५	४	१२
१३.	"	वीरसाल	३१	८	११
१४.	"	वीरसाल सेन	४७	०	१४

महाराजा वीरसाल सेनाक तागेले प्रधान वीरमहान हाणे वध करनु ताणे आपणेले शासन सुरु केलें. वीरमहानाले वंशातुले १६ रायांगेलो विवरु असि -

१.	श्रीमन महाराजा	वीरमहान	३५	१०	८
२.	"	अजितसिंह	२७	७	१८
३.	"	सर्वदत्त	२८	३	१०

With best compliments from :

COCHIN VINYLS

8/1813, Town Hall Road, Koovappadom, Cochin - 2.

Phone : 9847275478

Mfrs. of : POLYTHENE BAGS, SHEETS, COLOUR TUBINGS, L. D. GROCERY COVERS, BLACK GARBAGE BAGS (1ST QUALITY), H. M. GROCERY COVERS, H. M. SILKY SHEETS & L. D. RUBBER RAINGUARDING SHEETS



एल. नारायण मल्या

- सुरेश ए. शेणै, कोच्ची

1913 मार्च 24 सोमारा कोच्चीन्तु एन. लक्ष्मण मल्या अनि कावेरीलो तिस्सरो पूतु जाव्नु एल. नारायण मल्या जन्मा आयलो। टी. डी. हाईस्कूळान्तु प्रारंभिक शिक्षा अनि महाराजास काळेजान्तु 1936 न्तु बी. ए. बिरुद प्राप्त केल्लें। नन्तर एम. एस. सी. बैंकान्तु कामाक लागलो। स्वल्प काल जत्तरी चेर्तला एक स्वकार्य स्थापनान्तु (मम्माले - गणेश पै हांगेले - तेल्ला मिल्लान्तु) काम केल्लें।

M.E.18-9-1111न्तु कनकाबाई जाव्नु विवाह जल्लें। दम्पतीचेरि तीन चेर्डुंव जल्लीं - एक चेल्लो अनि दोनि चेल्लीयो।

तंका कोंकणी काव्यान्तु भारि रुचि अस्सिल्ली। देकून तन्नि 'भक्त कुचेल चरित्र', 'भक्त प्रह्लाद चरित्र', 'भक्त ध्रुव चरित्र', 'भक्त गजेन्द्र मोक्ष' इत्यादी M.E. 1117 न्तु बरेयलें। मात्र न्हय 5 कोंकणी कीर्तन (राग सेय्त) लगेन रचीलें। ह्यें सग तन्नि एक पुस्तकारि मलयाळम लिपीन बरोव्नु दवर्ले (M.E. 1131)। तेवेंय स्वयं रचन केल्लेलें म्होणु दस्कत (ओप) सेय्त। तंक्का ते छापूक अस्सिलो उद्देश्यु अस्सिलो जाय्त। तेचि वरि श्रद्धेय जाव्नु अस्सिले एक कूट लगेन तन्नि केल्लें। शिष्य समेत श्रीमद् सुकृतीन्द्र स्वाम्यांगेले प्रथम गोश्रीपुरान्तुले (कोच्ची) M.E.1123 मीन मासाचे तिस्सावे दिस्साचे आगमन अनि पुण्यतिथी अनुस्मरण कोर्नु पद्यरूपान बरेयलेलें। ते अतँ वच्चील्यारीय अम्मि चोंव्वेवरी दिसता।

मलयाळम अनि आंगलेय भाषेनय तन्नि कविता अनि लेखन सग बरोवनु दवर्लेले अस्स। तन्तु प्रथम लोक महायुद्ध 'ओट्टन तुळ्ळल' (केरळचे एक विशेष नृत्य रूप) रूपान केल्लेले। अवतरण चम्कीलेलेंय अस्स।

अस्सि अस्सिले ते 1964 आगस्त 4 मंगळारा एक वरारि श्रावण मास कृष्ण पक्ष एकादशीक परलोकान्तु गेल्ले। इत्तूलीं वर्ष जाव्नु तन्नि अनि तंगेली कृतीयो कोंकणी साहित्य लोकाक अज्ञात जाव्नु रब्बीलीं। आदर पुरस्सर तंक्कायि अनि तंगेली कृतीयोयि 'स्पन्दना' वट्टेन तुम्का जाणोव्नु दित्तायि। ह्येंचि तंक्का अस्सिल्ली स्मरणाञ्जली म्होणु अम्मी लेकीतायि। तंगेली कृतियो सग एक पुस्तक रूपारि लगीचि तुम्का वच्चूक मेळतली म्होणु आशा पांवतायि।

With best compliments from : Phone : 0488 2432666

Mallaya Jewellers

Ipe Building,
OTTUPARA (THRICHUR DIST.)

भक्तीन जल्यारि भयं इत्याक ?

- गोश्रीपुरं हरिकुमार

Since 1973

RAMRAJ ENTERPRISES

T. D. EAST SANNIDHI ROAD
ERNAKULAM – 682 035
PH : 0484 – 2368038/2365102, FAX : 2381784
E-mail: ramraj_ekm@yahoo.com

KITCHEN ACCESSORIES + ARCHITECTURAL HARDWARE + PAINTS

KITCHEN ACCESSORIES : HETTICH, HI-TECH

LOCKS : BONUS, LINK, CRUST, EUROPA GUIDE, IPSA, MILTON PRIDE, ACME

HINGES STAINLESS STEEL : AKS, SARTAJ, CHANDAN

HINGES BRASS : MAGNUM, SUN

DOOR CLOSER & FLOOR SPRING : MAGNUM, OZONE, HYPER, ROYAL

SS HARDWARE FITTING : JWELL, RICHIE

ALUMINUM FITTING : GULZAR, CROWN ISI

FURNITURE FITTING & : HETTICH INTERNATIONAL, OZONE

APPLICATIONS : POLO, PERFECT

PAINTS : BERGER, SLEEK, MRF, ARALDITE, DR.FIXIT, FEVICOL, M SEAL, BLUDIP, METROLIME, VEETO

Reg. No. KERKON/2012/45527 **SPANDAN** Registered - No. EKM/732/2012-14

Vol. No. 3 Issue No. 6 Rs. 5/- Published by : KERALA KONKANI ACADEMY, KOCHI 10th June 2014

Printed and published by Suresh A. Shenoi on behalf of Kerala Konkani Academy and Printed at M/s. Prakash Process, Srinivasa Mallan Road, Ernakulam, Kochi - 682 035, Ph : 2350960 and Published at 8/28, Santheri,1st Floor,Opp. M.S.C. Bank Ltd., Cherlai Road, Kochi - 682002. Editor - Suresh A. Shenoi